**विद्यार्थ्यांनी आपले शिकपाचें उद्दीश्ट पुर्ण करून जीणेत यसस्वी जावचें-आलेक्स सिक्वेरा**

ता. 25 सप्टेंबर 2024

कायदो आनी न्यायमंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा हांणी विद्यार्थ्यांक आपले शिकपाचे उद्दीश्ट पुर्ण करून जीणेत यसस्वी जावपाचो सल्लो दिला. सिक्वेरा काल मडगांवच्या रविंद्र भवनात दक्षीण गोंय जिल्हा मडगांव स्कुल कॉम्पलेक्स को-ऑपरेटिव्ह क्रेडिट सोसायटीन आयोजीत वर्सुकीं सत्कार सुवाळ्यात उलयताले.

विद्यार्थ्यांनी वायट सवयींपासून पयस रावन आपल्या अभ्यासात प्राविण्य मेळोवचें, अशें सांगून सिक्वेरा हांणी दक्षीण गोंय जिल्हा मडगांव स्कुल कॉम्पलेक्स को-ऑपरेटिव्ह क्रेडिट सोसायटीन विद्यार्थ्यीं आनी शिक्षक वर्गाच्या फायद्या खातीर सुरू केल्ल्या उपक्रमांची तोखणाय केली आनी संस्थेच्या उपक्रमांक लागून शिक्षकांक आदार मेळटा तशेंच थळाव्या अर्थ वेवस्थेक योगदान मेळटा, अशें सांगलें. मंत्र्यान सत्कार जाल्ल्या गुणवान विद्यार्थ्यीं आनी शिक्षकांचेय अभिनंदन केले.

समग्र शिक्षा अभियानाचे राज्य समन्वयक श्री. जॉन सिल्वेरा हांणी विद्यार्थ्यांची कुशळटाय वाडोवपाची गरज व्यक्त करून विद्यार्थ्यांकडेन तांत्रिकी कुशळटाय आसल्यार तांकां आत्मनिर्भर जावपाक मजत जातली, अशें सांगलें.

संस्थेचे उपाध्यक्ष श्री. तुळशीदास देसाय हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले. अध्यक्ष श्री. बाबाजी सावंत हांणी संस्थेच्या कार्याची म्हायती दिली.

संस्थेचे सचीव संदीप रेडकर, भांडारी श्रीमती लॉरेन्सिया रिबेलो आनी हेर सदस्य कार्यक्रमाक हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/510

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.